मुख्यमंत्र्याकडल्यान गोंयच्या लोकांक दसऱ्याची परबीं

ता. 19 ऑक्टोबर 2026

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दसऱ्याच्या शुभ आनी उमेदीच्या प्रसंगार गोंयच्या लोकांक उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामनां भेटयल्यात.

मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा, दसरो हो आमच्या संस्कृतीचो एक म्हत्वाचो सण, जो सद्‌गुणांनी वायट प्रवृत्तीचेर, सत्यान असत्याचेर मेळयिल्ल्या जैताचे प्रतिक आसा. दसऱ्याची भावना आमकां एकजूट आनी निर्धारान आव्हानांचेर मात करपाक प्रेरणा दिता.

दसऱ्याचो उत्सव प्रत्येक कुटुंबात खुशालकाय, शांतीकाय, समृध्दी आनी बरी भलायकी घेवन येव. नितळ, हरीत, प्रगतीशील आनी सलोख्याचे गोंय निर्माण करपा खातीर दसऱ्याच्या उत्सवातल्यान आमकां प्रेरणा मेळू.

दसऱ्याचो सण प्रत्येकाच्या जीणेत अदीक शांतीकाय, खुशालकाय आनी भरभराट घेवन येव, अशें मुख्यमंत्री म्हणटा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/657

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.